23 फेब्रुवारी 2025,राष्ट्रीय खबरो , सांजेची 6.30 वरां.

पीएम मन की बात 340

अंतराळ मळार आनी कृत्रीम बुध्दीमत्तेंत भारतीय तरणाट्यांचो वाडत वचपी सहभाग नवे क्रांतीक जल्म दिता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळींतल्यान आयज प्रधानमंत्र्यान लोकां कडेन संवाद सादलो. हो ह्या कार्यावळीचो एकशें एकोणिसावो भाग आशिल्लो. नवें तंत्रगिन्यान स्विकारून तें आपणावपाक भारतांतले लोक मुखार आशिल्ल्याचें प्रधानमंत्र्यांनी म्हळें.

अंतराळ मळा प्रमाण भारतूय कृत्रिम बुध्दीमत्तेच्या मळार आपली वळख नेटान स्थापन करपाक लागला अशें तांणी सांगलें. ह्या मळावेल्या संदर्भांत पॅरिसांत जाल्ले परिशदेंत भारताचें प्रगतीची संवसार तोखणाय करता ताचो अणभव प्रधानमंत्र्यांनीं प्रेक्षकां मुखार मांडलो.

फुडल्या दिसांनी आमी राष्ट्रीय विज्ञान दीस मनयतले हाचो उगडास करून दितनां आमच्या भुरग्यांक विज्ञानाची आवड आसप गरजचें आशिल्ल्याचें प्रधानमंत्री मोदी हांणीं सांगलें. हें नदरेन तांणीं ‘ विज्ञानीक म्हूण एक दीस ’ ही कल्पना मांडली. नागरिकांनी आपल्या सोयी प्रमाण एक दीस वेंचून काडून संशोधन प्रयोगशाळा, ग्रहालय वा अंतराळ संशोधन केंद्रांक भेट दिवन शास्त्रज्ञ म्हणून जिणेचो अणभव घेवचो अशें आवाहन प्रधानमंत्री मोदी हांणीं केलें.

फुडल्या म्हयन्यांत 8 मार्चाक मनोवपी संवसारीक बायलांचो दीस आमच्या महिला शक्तीक वंदना दिवपाची एक खाशेली संद आशिल्ल्याचें तांणी सांगलें. ह्या बायलां दिसा म्हणल्यार 8 मार्चाक आमी आमचीं सोशल मिडिया खातीं देशांतल्या कांय प्रेरणादायी बायलांक एक दीस दितले. ह्या खात्यांचेर तीं आपलें काम, तांकां मुखावेली आव्हानां, अणभव तीं देशांतल्या लोकां मुखार मांडटलीं अशें तांणी सांगलें. नमो ॲपाचेर हे खातीर तयार केल्ल्या माचयेवेल्यान बायलांक ह्या उपक्रमांत वांटो घेवपाचें आवाहन प्रधानमंत्री मोदी हांणीं केलां.

आयच्या मान की बात कार्यावळींतल्यान प्रधानमंत्र्यानीं उत्तराखंडांत जाल्ले राष्ट्रीय खेळां सर्तींतल्या जैतिवंतांक तांचे कामगिरी खातीर परबीं भेटयल्यां.

तंदुरूस्त आनी निरोगी राष्ट्र जावपा खातीर भारताक लठ्ठपणाची समस्या पयस करची पडटली अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. ही समस्या वाडत आसा आनी हें दाखोवपी आंकडेवारी गंभीर आसा. आमी ही समस्या सामुहीकपणान ल्हान यत्नांनी हाताळपाक जाय अशें तांणी सांगलें. लठ्ठपणांक तोंड दिवप ही वयक्तीक निवड न्हय तर आमच्या कुटुंबप्रती आमची जापसालदारकी आशिल्ल्याचें तांणी सांगलें. लोकांनीं आपल्या आहारांतल्या खावपाच्या तेलाचो वापर धा टक्क्यांनी उणो करचो अशें आवाहन ह्या वेळार तांणी केलें.

देशांत धावी आनी बारावेची परिक्षा सुरू आसा तिचोय उल्लेख प्रधानमंत्र्यानीं केलो. परिक्षा दिवपी विद्‍यार्थ्यांक खुशाल आनी ताण मुक्त रावपाचो सल्लो प्रधानमंत्र्यानीं ह्या वेळार दिलो.

पीएम 100

सगळ्यां खातीर भलायकी हो आपल्या सरकाराच्या सबका साथ सबका विकास संकल्पाचो मुखेल स्तंभ आशिल्ल्याचें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां.

मध्य प्रदेशांतल्या छतरपूर जिल्ह्यांतल्या बागेश्वर धाम वैजकी आनी विज्ञान संशोधन संस्थेचो बुन्यादी फातर बसयतनां प्रधानमंत्री मोदी उलयताले.

गरीब कॅन्सर दुयेंतींक हे संस्थेंत फुकट उपचार मेळटले अशें तांणी ह्या वेळार सांगलें.

कॅन्सरा आड झुजपा खातीर अंदूच्या अर्थसंकल्पांत जायत्यो घोशणा केल्यात अशें कॅन्सराचेर उपचार करपा खातीर सरकारान केल्ल्या यत्नांचो उल्लेख करीत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

कॅन्सराचीं वखदां सवाय करून फुडल्या तीन वर्सांत दरेका जिल्ह्यांत कॅन्सराचें डे केअर सेंटर सुरू करतले अशें तांणी सांगलें. तशेंच जिल्लो हॉस्पिटलांनी कॅन्सराचे दवाखाने सुरू करपाची घोशणा तांणी केली.

दिल्ली 55

फाल्यां सावन सुरू जावपी तीन दिसांच्या विधानसभा अधिवेशनात कॅगाचो अहवाल सादर करप हो सगळ्यांत महत्त्वाचो भाग आसतलो अशें दिल्लीच्यो मुखेलमंत्री रेखा गुप्ता हांणी म्हणलां.

विधानसभेच्या पयल्या अधिवेशनांत सगल्या आमदारांक सोपूत दितले अशें विधीमंडळ पक्षाचे बसके उपरांत घेतिल्ले पत्रकार परिशदेंत मुख्यमंत्री गुप्ता हांणीं सांगलें. फाल्यां विधानसभेचे सभापती आनी उपसभापतींची वेंचणूक जातली अशें रेखा गुप्ता हांणीं सांगलें.

राश्ट्रपती 40

समाजसेवक स्वामी दयानंद सरस्वती हांच्या जयंती निमतान राश्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी तांका श्रद्धांजली ओंपल्यां.

स्वामी दयानंद सरस्वती हांणी शिक्षण आनी समाज सुदारणे खातीर केल्ल्या वावराक लागून समाजांत सकारात्मक बदल घडले अशें राश्ट्रपती मुर्मु हांणी सोशल मिडियावेल्या एका पोस्टा वरवीं म्हळां.